१३.०८.२०२५ Panaji ७.20 pm

## प्रादेशिक खबरो

- मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री आनी भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नवी दिल्लींत जे पी नड्डा हांची भेट घेतली
- तिरंगाच्या इतिहासाची म्हायती दीवपी प्रदर्शनाचें आयज पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले
- निवृत्त शिक्षक लेगीत सदांकाळ शिक्षकच उरता अशें राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी म्हणला

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री आनी भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नवी दिल्लींत जे पी नड्डा हांची भेट घेतली. गोंय अनुसुचीत जमातीं राजकी आरक्षण विधेयक संसदेंत संमत जाल्ल्या खातीर मुख्यमंत्र्यान उपकार मानले. गोंय वैजकी म्हाविद्यालया खातीर 50 अतिरिक्त एमबीबीएस जाग्याचो प्रस्ताव बेगीन पुराय करपा खातीर मुख्यमंत्र्यान तांचो आदार मागलो, जो प्रस्ताव हे पयलींच राष्ट्रीय वैजकी आयोगा कडेन सादर केला.

राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्था (एनआयटी) गोवान , गोय कुंकळी पोलिस स्टेशनच्या सहकार्यान काल हर घर तिरंगा रॅलीचे आयोजन केले स्वातंत्र्य दिसाचे महत्त्व जनतेक कळचे आणि नागरिकांमदी देशभक्तीची भावना निर्माण जावची म्हण ही रॅली एनआयटी गोवा कॅम्पससावन सुरू जाली आणि कुंकळी मार्केट मेरेन गेली. एनआयटी गोयचे संचालक प्रो. ओ. आर. जयस्वाल यांनी या रॅलीक पाचवो बावटो दाखयलो. कुंकळी पोलिस स्टेशनाचे प्राध्यापक, कर्मचारी, विद्यार्थी, सुरक्षा कर्मचारी, गृहनिर्माण कर्मचारी आणि पोलिस कर्मचारी यांनी या कार्यक्रमात सक्रिय सहभाग घेतलो, जो तांचे मदी राष्ट्रीय एकता आणि अभिमान वाडोवपाचो एक सामूहिक प्रयत्न. मोहिमेचो एक भाग म्हणून, सगळे रहिवासी आणि दुकानदारांक भारताच्या ७९ व्या स्वातंत्र्य दिसानिमित्त १३ ते १५ ऑगस्ट २०२५ मजगती त्यांच्या घरांचेर आणि आस्थापनांचेर राष्ट्रध्वज फडकवपाक प्रोत्साहित करतात

तिरंगाच्या इतिहासाची म्हायती दीवपी प्रदर्शनाचें आयज पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले हर घर तिरंगा मोहिमेचो एक भाग म्हण पुरातत्व संचालनालयान 13 ऑगस्ट ते 15 ऑगस्ट मेरेन संस्कृति भवन पाट्टो पणजी हांगा तिरंगाच्या इतिहासाचेर हे

इतलेमजगती गोंय येरादारी खात्यान आयज पणजे शारात मोटरसायकल पायलट तशेंच पर्यटक टॅक्सी ड्रायवरांच्या जोडपालवान खासा रॅली काडली.ह्यावेळार तांणी वंदे मातरम तशेंच भारत माता की जय अशो घोशणा दील्यो. जाल्यार गोंय भारतीय जनता पार्टीच्या बायला मोर्चान हर घर तिरंगा ह्या उपक्रमाचोच भाग म्हण शहीद प्रतीमा स्वच्चता उपक्रमावरवी आयज पणजे आझाद मैदानावेले हुतात्मा स्मारकाची स्वच्छता केली.

दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायतीक प्रशासकीय निधी म्हूण गोंय सरकारान साडेचार कोटी रुपया मंजूर केल्यात आनी ह्या निधीतलो कांय वांटो जिल्हा पंचायत कार्यालयाच्या सुदारणेखातीर वापरतले. ही म्हायती दक्षिण गोंय जिल्हा पंचायतीची अध्यक्ष अनिता थोरात हांणी दिली. थोरात हांचे यजमानकेखाला दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायतीची पयली बसका जाली. १५व्या वित्त आयोगाकडल्यान जिल्हा पंचायतीक अजून कांय रक्कम येवपाची बाकी आसा तीय रक्कम बेगोबेग मेळची ह्याखातीर प्रयत्न जातले अशें तांणी सांगलें. त्याशिवाय दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायतीचे स्वत:चे भवन बांदपाखातीर दवर्ली हांगा सुवात पळयला अशीय म्हायती तांणी दिली.
हे बसकेत गोंय सरकारान तिसरो जिल्हो करपाचो जो प्रस्ताव दवरला त्या प्रस्तावाक तेंको दिलो जाल्यार एसटी राजकी आरक्षण विधेयक लोकसभा आणि राज्यसभेत मंजूर जाल्लेखातीर केंद्र आनी राज्य सरकाराक परबी दिवपाचो थाराव हे बसकेत मानून घेतलो.

15 ऑगस्ट क पोरन्या सचिवालयाच्या मुखार स्वातंत्र्य दीस मनयतात देखून 13 ऑगस्ट आनी 14 ऑगस्ट ते 15 ऑगस्ट मेरेन येरादारी वळयतले .13 ऑगस्ट क सकाळीं 6.00 ते 15 ऑगस्ट सकाळीं 6.00 मेरेन बांदोडकार पुतळया सावन आबादे फारिया पुतळया मेरेनचो डीबीबी रस्तो वाहन येरादारी खातीर बंद आसतलो.15 ऑगस्ट क सकाळीं 6.00 वरांचेर डीबीबी रस्त्याचो सुवाळो सोंपमेरेन. बांदोडकर पुतळया सावन फेरी व्हार्फ जंक्शन मेरेनचो रस्तो वाहनां येरादारी खातीर बंद आसतलो.

13 ऑगस्ट क  सकाळीं 6:00 ते 14 ऑगस्ट सकाळीं 6:00 मेरेन डीबीबी रस्त्याचेर येरादारी सदचे भशेन वचपाक मेळटली. 14 ऑगस्ट सकाळीं 6:00 वरांचेर ते  15 ऑगस्ट 2025 दिसा कार्यावळीच्या निमाणे मेरेन येरादारी फेरी व्हार्फ जंक्शनांकड च्यान अर्बन हेल्थ सेंटर चर्च स्क्वेअर - जोसेफ फाल्काओ रस्तो/कोरतीन सावन  प्रिंटिंग प्रेस जंक्शनांकडे  वळयतले.वाहन चालकांनी वयल्या वळईल्या  मार्गांचेर आपलीं वाहनां उबीं करचीं न्हय आनी येरादारी पुलीसांक सहकार्य करून येरादारीचो प्रवाह सुटसुटीत करचो अशी विनंती आसा .

हर घर तिरंगा ह्या मोहिमेखाला काल आनी आयज मडगाव तसेच नावेली ह्या सुवातींनी प्रभात फेरयो आनी हेर कार्यावळी जाल्यो. फाल्यां सांजवेळा अशीच एक तिरंगा यात्रा मडगाव पालिका उद्यानाभोवतणी जातली अशें आयोजकांनी कळीत केला.
भारताच्या ७८व्या स्वातंत्र्य दिसा निमतान 'हर घर तिरंगा' ही मोहिम हातात घेतिल्ली आसून काल नावेली हांगा ह्या माेहिमेखाला तिरंगा यात्रा काडली. ह्या यात्रेक थळावे आमदार उल्हास तुयेकार हांणी वांटाे घेतिल्लो. आयज ह्या मोहिमेखाला घरां घरां वचून तिरंग्याविशी जागृती करपाची मोहिम नावेली वाठारात सुरु जाली.
मडगांवां ह्या निमतान भारतीय जनता पक्षाच्या कार्यालयात झेंडो लावन ही मोहिम सुरु केली. त्या आदी काल मडगावच्या विद्यार्थ्यांनी मडगाव पालिका उद्यानाक फेराे मारुन जागृती केल्ली. अशेच तरेची अानीक एक तिरंगा यात्रा फाल्यां सांजवेळा ५ वरांचेर मडगावां उद्यानाभोवतणी काडतले. दक्षिण गोंयांतल्या हेर वाठारांनी हे निमतान वेगवेगळयो कार्यावळी जावपाच्यो आसात.

पेडणेचे आमदार जीत आरोलकर हाणी आयज वट्ट 45 लाडली लक्ष्मी एवजणे च्या लावारथांक मंजूरी पत्रा भेटयली आनी उरील्ली रोखडीच 15 दिसाभितर दितले अशे सांगले byte

राज्यभरातल्या  प्रमुख उजो आणि आपत्कालीन परिस्थिती व्यवस्थापित करपाक उजो पलोवपी  आणि आपत्कालीन सेवा संचालनालयाचे संचालक नितीन व्ही. रायकर यांच्या अनुकरणीय नेतृत्वाची दखल घेत, भारत सरकारन १४ ते २० एप्रिल २०२५ मजजती आयोजित उजो पलोवपी  प्रतिबंधक सप्ताहा निम्तान उजो पलोवपी  आणि आपत्कालीन सेवा संचालक नितीन व्ही. रायकर हांका  कांस्य डिस्क पदक आणि प्रशंसापत्र प्रदान करतले नितीन रायकर 3 जानेवारी 1991 दिसा उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयांत सहाय्यक स्टेशन उजो पालोवपी अधिकारी म्हणून कामाक लागले आनी 1998 वर्सा स्टेशन उजो पालोवपी अधिकारी, 2010 वर्सा सहाय्यक विभागीय अधिकारी आनी 2014 वर्सा उपसंचालक (उजो पालोवपी सेवा) पदाचेर तांका बडटी मेळ्ळी.

तानी उप अधिकारी अभ्यासक्रम, स्टेशन अधिकारी आनी प्रशिक्षक अभ्यासक्रम आनी विभागीय अधिकारी अभ्यासक्रम सयत खाशेलें प्रशिक्षण घेतलां आनी तातूंत ताणें भांगरा पदक मेळयलां. तेभायर भारत सरकाराच्या गृह मंत्रालयान प्रायोजीत केल्ल्या ब्रिटनांतल्या मोरेटन-इन-मार्श हांगाच्या फायर सर्विसेस कॉलेजींत ताणें खाशेलें प्रशिक्षण पुराय केलें.

निवृत्त शिक्षक लेगीत सदांकाळ शिक्षकच उरता आनी तांका समाज सदांच मान दिता अशें राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी सांगले. उच्च माध्यमिक प्राचार्य फोरम संघटणेन कुजीरा हांगाच्या डॉ. हेडगेवार उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या परिषद सभाघरांत घडोवन हाडिल्ल्या निवृत्त प्राचार्यांच्या भोवमान कार्यावळींत ते उलयताले. विद्यार्थी आदर्श जावपाक शिक्षकांचे व्हड योगदान आसता आनी हे आदर्शत्व आपल्या विद्यार्थ्यांनी मेळोवचे खातीर प्राचार्यांनी आचार्याची भूमिका निभोवची अशें तांणी सांगलें. उच्च माध्यमिक प्राचार्य फोरम संघटणेचे अध्यक्ष उमेश नाईक हांणी येवकाराचे उलोवप केले. सचिव गोविंदराज देसाय हांणी उपकार मानले. ह्या सुवाळ्याआदी उच्च माध्यमिक प्राचार्य फोरम संघटणेची नवी समिती वेंचून काडपाखातीर आम सभा जाली. दक्षीण गोयातल्यान आनी उत्तर गोंयातल्यान चार - चार अशें आठ वांगडी ह्या समितीचेर बिन विरोध वेंचून आयले. स्वामी विवेकानंद उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य जुझे गोम्स हांणी वेंचणूक अधिकारी म्हण काम पळयलें.

व्यक्तीक खंयचीय येवजण, फायदो वा सेवा दिवपा खातीर आधार स्वीकारपी विभागांनी/संस्थांनी सुरक्षीत क्यूआर कोड स्कॅनर वापरून ताची प्रामाणीकता तपासची.

क्यूआर कोड स्कॅन करून आधार तपासल्यार बनावट आनी फटीच्या धोक्यांतल्यान प्रणालीची राखण करपाक मदत जाता. क्यूआर कोड सत्यापन केल्यार मूळ यू आय डी ए आय डेटा रोखडोच उक्तो जाता.

आधार ही डिजिटल वळख प्रणाली आसा जी ऑनलायन प्रमाणीकरण तशेंच ऑफलायन सत्यापनाक आदार दिता. दर एका आधार कार्डांत, पीव्हीसी कार्डांत वा डाउनलोड केल्ल्या ई-आधारांत एम्बेड केल्लो आधार सुरक्षीत क्यूआर कोड हें एक उपेगी खाशेलपण आसा.

दर वर्सा प्रमाण मेनेझेस ब्रागांझा संस्था, पणजी स्वातंत्र्य दिसाच्या आदल्या दिसा 14 ऑगस्ट क  दनपारां 3.30 वरांचेर संस्था मेनेझेस ब्रागांजाच्या परिशद सभाघरांत "बहुभाषी कवी परिशद" (गोवा - पातळेचेर) घडोवन हाडल्या.

हे परिशदेंत राज्यांतले वेगवेगळे कवी वांटो घेतले.

खेळा आणि युवा वेव्हार खात्या वतीन आयोजित पेडणे तालुका १४ वर्सा चलयांच्या बेडमिनटन सर्तीत विकास हायस्कूल वेलपे विर्नोडा हाणी जैत जोडले.तर 17 चल्याच्या टेबल टेनिस सर्तीत पेठेवाडा कोरगावच्या श्री कमलेश्वर हायस्कुलान जैत मेळयले

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान २९.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले